# गोंयच्या शाळांक स्वच्छ विद्यालय पुरस्कार

ता. 4 सप्टेंबर 2018
13 भाद्रपद 1940

गोंय राज्यातल्या दक्षिण गोंयच्या द किंग्स स्कूल, मुगोळी-मडगाव आनी सरकारी हायस्कूल, मळकर्णे हया दोन शाळांची देशातल्या 52 शाळांमदी राष्ट्रीय पावंडयावयल्या स्वच्छ विद्यालय पुरस्काराखातीर निवड जाल्ली आसा.

नवी दिल्लीच्या जनपथ मार्गावयल्या डॉ. आंबेडकर इंटरनॅशनल सेंटरात ता. 18 सप्टेंबर 2018 दिसा जावपी सुवाळयात मानव संसाधन विकासमंत्री श्री. प्रकाश जावडेकर हांचे हस्तूकीं संबंदीत शाळांक हे पुरस्कार भेटयतले.

रोख रू. 50,000/- आनी प्रशस्तीपत्र अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.